**<u>मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं कर भवनाचे उक्तावण</u>**

ता. ९ जुलय 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं आयज आल्तिन पणजी हांगा सुमार 19.46 कोटी रूपया खर्च करून राज्य विक्रीकर खात्याखातीर बांदलेल्या नव्या गोंय राज्य कर भवन इमारतीचे उक्तावण जाले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान कोवीड म्हामारीक लागून राज्याच्या अर्थवेवस्थेचेर परिणाम जाल्लो आसलो तरी सरकाराक अर्थवेवस्था सांबाळटना खुप कसरत करची पडली म्हणपाचे सांगून लोकांनी आपलो कर वेळार फारीक करून सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

कर एकटाय करून राज्याच्या अर्थवेवस्थेक बळकटी हांडपाखातीर कर खात्याच्या अधिकाऱ्यांकडल्यान जावपी प्रयत्नांची तोखणाय करून कर एकटाय करपाचे प्रमाण रू. 2800 कोटीवयल्यान रू. 4000 कोटी केल्यात अशें तांणी म्हणलें. मुख्यमंत्र्यान कर खात्यात कर्मचाऱ्यांची भरती, बढत्यों आनी हेर प्रस्न रोखडेंच सोडोवपात येतले, अशें सांगले.

विक्रीकर आयुक्त श्री. हेमंत कुमार हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात खात्याकडल्यान कर एकटाय करपाच्या प्रक्रीयेत सुटसुटीतपणा हांडपाखातीर तशेंच वेपारी वर्गाक कार्यक्षम सेवा दिवपाखातीर प्रयत्न करपात येता म्हणपाचे सांगून खात्यान 2021त 4000 कोटी कर एकटाय केल्ल्याचे सांगले.

मुखेल सचीव श्री. परिमल राय , प्रधान वित्त सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, कृशी सचीव श्री. चोखाराम गर्ग आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/583

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji